**TRANSLATED COPY**

(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्याय-निर्णयाचो कोंकणी अणकार)

दिलीप के. बासू आनी हेर

विरुद्ध

पश्चीम बंगाल राज्य आनी हेर

1 ऑगस्ट 1997

[डॉ. ए. एस. आनंद आनी के. टी. थॉमस, मानादीक न्यायमुर्ती]

*भारताचें संविधान, 1950:*

*अनुच्छेद 21, 22 आनी 32 – कोठडेंत हिंसाचार – डी. के. वासू केशींत दिल्ले निर्देश* - संबंदीत अधिकारिणीं कडल्यान अनुपालन अहवाल मागल्यात.*

**डी. के. बासू विरुद्ध पश्चीम बंगाल राज्य*, [1997] 1 एससीसी 416, संदर्भीत केल्ली.

फौजदारी मुळावें अधिकारक्षेत्र: फौजदारी विवीध याचिका 1997ची क्र. 4201.

भारताच्या संविधानाच्या अनुच्छेद 32 खाला.

प्रकरणां

रीट याचिका (सीआरएल.) 1986ची क्र. 539.

भारताच्या संविधानाच्या अनुच्छेद 32 खाला.

रीट याचिका (सीआरएल.) क्र. 592/87.

डॉ. ए. एम. सिंघवी, अतिरिक्त सॉलिसिटर जनरल (ए.सी.), श्रीमती सुरुची अग्रवाल, सुशील कुमार जैन, वाय. पी. धमिजा, बी. कृष्ण प्रसाद, श्रीमती ए. सुभाशिनी, बी. बी. सिंग, उमा नाथ सिंग, बी. एस. चाहर, अशोक माथुर, श्रीमती हेमंतिका वाही, श्रीमती नंदिनी मुखर्जी, कैलाश वासदेव, सी. के. ससी, राज कुमार मेहता, दिलीप सिन्हा, के. आर. नागराजा, श्रीमती एस. जननी, अरुणेश्वर गुप्ता, जी. प्रकाश, श्रीमती बीना प्रकाश, शकील अहमद सयद, एस. एम. जाधव, डी. एम. नार्गोळकर, ए. एस. पुंडीर, आर. बी. मिश्रा, गुंटूर प्रभाकर, प्रेम मलहोत्रा, एम. विरप्पा, आर. एस. सोधी, जे. के. मान्हस, वी. कृष्णमुर्थी, डी. एन. मुखर्जी, टी. श्रीधरण, गोपाल सिंग, डी. एस. मेहरा, श्रीमती कामाक्षी सिंह मेहलवाल, व्ही. जी. प्रगासम आनी श्रीमती कामिनी जैसवाल हे उपस्थीत रावपी पक्षकारा वतीन आसात.

न्यायालयान सकयलो आदेश दिलो:

*डी. के. बासू विरुद्ध पश्चीम बंगाल राज्य*, [1997] 1 SCC 416 हे केशींत 18 डिसेंबर 1996 दिसा, ह्या न्यायालयान कोठडींतल्या हिंसाचाराचेर आळाबंद हाडूंक उपाय म्हणून कायदेशीर तरतूद करीत मेरेन, अटक वा स्थानबद्दतायेच्या सगळया केशींनी पाळूंक जाय अश्यो कांय मुळाव्यो “आवश्यकतायो” थारायल्यात. त्यो आवश्यकतायो सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसात:

> “1. अटक करपी आनी अटक केल्ले व्यक्तीची चवकशी करपी पुलीस कर्मचाऱ्यांनी ताच्या पदनामा सयत अचूक, स्पश्ट दिसपी आनी स्पश्ट वळख जावपी नांवाची पाटी लावंक जाय. अटक केल्ले व्यक्तीची चवकशी करपी सगळया पुलीस कर्मचाऱ्यांचे तपशील नोंदपुस्तिकेंत नोंद करूंक जाय.

2. पुलीस अधिकाऱ्यान अटक करपी व्यक्तीक अटक करतना अटकेचो मॅमो तयार करूंक जाय आनी ह्या मॅमोचेर कमीत कमी एका साक्षिदारान साक्षांकीत करूंक जाय. हो साक्षिदार अटक केल्ले व्यक्तीचो घरचो वा जे सुवातेर अटक केल्या त्या परिसरांतलो सन्माननीय व्यक्ती आसूंक शकता. अटक केल्ली व्यक्ती ताचेर प्रतिसय करूंक जाय आनी ताचेर अटकेचो वेळ आनी तारीख आसूंक जाय.

3. जे व्यक्तीक अटक केल्या वा स्थानबद्द केल्या आनी पुलीस स्थानकांत वा चवकशी केंद्रांत वा हेर अटक कोठडेंत, ते व्यक्तीक कोठडेंत दवरल्या आसल्यार, आनी जर अटकेच्या मॅमोचेर साक्षांकीत करपी साक्षिदार अटक केल्ले व्यक्तीचो इश्ट वा सोयरो नासल्यार, शक्य आसा तितले बेगीन ते व्यक्तीक अटक केल्या आनी ते व्यक्तीक थारावीक जाग्यार स्थानबद्द केल्या, हे विशीं ते व्यक्तीच्या एका इश्टाक वा सोयऱ्याक वा ते व्यक्तीचे वळखीचे हेर व्यक्तीक वा ते व्यक्तीच्या हितचिंतकाक कळीत करपाचो हक्क अटक केल्ले व्यक्तीक आसतलो.

4. अटक केल्ले व्यक्तीचो इश्ट वा सोयरो जिल्ल्याच्या वा नगराच्या भायर राबितो करता जाल्यार, जिल्ल्यांतल्या कायदो सहाय्य संघटणा आनी संबंदीत वाठारांतल्या पुलीस स्थानकाच्या माध्यमांतल्यान, अटकेच्या 8 ते 12 वरां भितर, ते व्यक्तीचे अटकेचो वेळ, सुवात आनी कोठडेची सुवात टॅलिग्राफा वरवीं (फोना वरवीं) कळीत करूंक जाय.

5. अटक केल्ले व्यक्तीक, अटक जाल्या उपरांत वा स्थानबद्द केल्या उपरांत रोखडेच ते व्यक्तीचे अटक वा स्थानबद्दताये विशीं एकाद्रे व्यक्तीक कळीत करपाचो हक्क आसा हाची जाणीव अटक जाल्ले व्यक्तीक करून दिवंक जाय.

6. व्यक्तीक अटक केल्ल्या संदर्भांत स्थानबद्दतायेचे सुवातेर डायरींत ताची नोंद जावंक जाय, जातूंत व्यक्तीचे अटके विशीं कळीत केल्ल्या ते व्यक्तीच्या इश्टाचें नांव आनी अटक केल्ली व्यक्ती ज्या पुलीस कर्मचाऱ्यांच्या ताब्यांत आसा तांच्या तपशिलाचो आसपाव आसूंक जाय.

7. अटक केल्ले व्यक्तीन जर विनवणी केल्यार, अटकेच्या वेळार ते व्यक्तीची तपासणी जावंक जाय आनी जर ताच्या / तिच्या शरिराचेर कसलीय गंभीर वा किरकोळ दुखापत आसल्यार, ताची नोंद त्या वेळार करूंक जाय. “तपासणी मॅमोचेर” अटक केल्ली व्यक्ती आनी अटक करपी पुलीस अधिकारी ह्या दोगांयनीय सयो करूंक जाय आनी ताची प्रत अटक केल्ले व्यक्तीक दिवंक जाय.

8. अटक केल्ली व्यक्ती, स्थानबद्द केल्ले कोठडेंत आसताना दर 48 वरांनी संबंदीत राज्य वा संघ प्रदेशाच्या भलायकी सेवा संचालकान नेमिल्ल्या मान्यताय प्राप्त दोतोरांचे नामिकेंत आसपाव आशिल्ल्या प्रशिक्षीत दोतोरा वरवीं ते व्यक्तीची वैजकी तपासणी करूंक जाय. भलायकी सेवा संचालकान सगळया तेहसील (तालुका) आनी जिल्ल्यां खातीर दोतोरांची अशी नामिका तयार करूंक जाय.

9. वयर उल्लेख केल्ल्या अटकेच्या मॅमो सयत सगळया कागदपत्रांची प्रत इलाका दंडाधिकाऱ्याक ताचे नोंदी खातीर धाडूंक जाय.

10. चवकशी वेळार अटक केल्ले व्यक्तीक आपल्या वकिलाक मेळूंक परवानगी दिवं येता, पूण पुराय चवकशेच्या काळांत अशी परवानगी दिवंक मेळची ना.

11. सगळ्या जिल्ल्यां आनी राज्य मुख्यालयांनी एक पुलीस नियंत्रण कक्ष उपलब्ध करूंक जाय, जंय, अटक करतकच 12 वरां भितर, अटक करपी अधिकारी अटके विशीं आनी अटक केल्ले व्यक्तीचे कोठडीचे सुवातेची माहिती सुचीत करतले तशेंच पुलीस नियंत्रण कक्षांत एका दर्शनी कळोवणी फलकाचेर ती माहिती प्रदर्शीत करूंक जाय.

ह्या न्यायालयान अशेंय मत व्यक्त केलें की, वयल्या आवश्यकतायांचें पालन करूंक अपेशी थारल्यार, संबंदीत अधिकाऱ्या आड खात्या अंतर्गत कारवाये सयत, न्यायालयाचो अवमान केल्ले खातीर दंड लेगीत दिवं येता आनी न्यायालयाच्या अवमाना खातीरची न्याय-प्रक्रिया, त्या प्रकरणाचेर प्रांतीक अधिकारक्षेत्र आशिल्ल्या देशांतल्या खंयच्याय उच्च न्यायालयांत सुरू करूं येता. ह्या न्यायालयान फुडें विचार मांडले:

वयर उल्लेख केल्ल्यो आवश्यकतायो दरेका राज्यांतल्या / संघ प्रदेशांतल्या पुलीस म्हासंचालकाक आनी गृह सचिवाक धाडटले आनी तांच्या क्षेत्रांत येवपी दर पुलीस स्थानकाचेर त्यो धाडप आनी दरेका पुलीस स्थानकांत दर्शनी जाग्याचेर प्रदर्शीत करप, हें तांकां बंधनकारक आसतलें. दूरदर्शनाच्या राष्ट्रीय नॅटवर्काचेर (नॅशनल नॅटवर्क ऑफ दूरदर्शन) दाखोवपा सयत आकाशवाणीचेर (ऑल इंडिया रेडियो) वयर उल्लेखीत आवश्यतायांचें प्रसारण करप, हें लेगीत उपेगाचें आनी मोट्या हिताचें थारूं येता, तेच भशेन, सामान्य लोकांचे माहिती खातीर ह्यो आवश्यकतायो थळाव्या भाशांनी प्रकाशीत आनी वितरीत केल्यार उपेगाचें थारूं येता. अटक केल्ले व्यक्तीच्या हक्कां विशीं जागृताय घडोवप हें आमच्या मतान, कोठडींतल्या गुन्यांवांच्या दुश्टपणांचेर उपाय म्हणून योग्य दिशेन घेतिल्लें

एक पावल आसतलें आनी पारदर्शकताय आनी उतरदायित्व हाडटलें. चवकशी आनी तपासा वेळार आक्षेपार्ह पद्दतींच्या वापराक लागून कोठडींतले गुन्यांव घडटात, ते जरी पुरायपणान सोंपचे नात तरी ताचेर आळाबंद हाडूंक ह्यो आवश्यकतायो आदार करतले अशी आस्त आसा.

हे निर्देश दिवन सात म्हयन्यां परस चड काळ जाला. ह्या याचिकां वरवीं, मुखेल याचिकेंत न्यायालयाक सहाय्य दिल्ले डॉ. सिंघवी ह्या विद्वान न्यायइश्टान *(Amicus Curiae)* वयल्या निर्देशांच्या अनुपालनाचो अहवाल दरेका राज्याच्या / संघ प्रदेशाच्या पुलीस म्हासंचालकान आनी गृह सचिवान ह्या न्यायालयाक दिवपाचो आनी आवश्यकतायांचें प्रसारण करपा संबंदान आकाशवाणी आनी दूरदर्शन राष्ट्रीय नॅटवर्कान घेतिल्ल्या पावलांचो अहवाल दिवचो, असो निर्देश दिवचो अशें मागलां.

अटक केल्ल्या व्यक्तींचे बाबतींत वयल्या निर्देशांच्या अनुपालना संदर्भांत संबंदीत राज्याच्या / संघ प्रदेशाच्या पुलीस म्हासंचालक आनी गृह सचिवा कडल्यान अहवाल ह्या न्यायालयाक धाडपा खातीर, ह्या आदेशाचे प्रती सयत ह्या अर्जाची प्रत 1 ते 31 प्रतिवाद्यांक धाडपाचो निर्देश आमी रॅजिस्ट्रीक दितात. खंयच्यो “आवश्यकतायो” खंयचे पद्दतीन पुराय केल्यात तशेंच खंयच्यो “आवश्यकतायो” अजून लेगीत पुराय करपाच्यो आसात आनी त्यो पुराय करूंक कसलीं पावलां उबारल्यांत हें दाखोवपी अहवाल तकट्याच्या स्वरुपांत दिवचो.

आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाच्या संचालकां कडल्यान प्रसारणा संदर्भांत अहवाल मागयतले.

हाचे भायर, 1 ते 31 प्रतिवाद्यांक सर्वोच्च न्यायालयांतल्या संबंदीत राज्यांच्या / संघ प्रदेशांच्या स्थायी वकिला (standing counsel) वरवीं कळोवणी दिवं येता. अहवाल मेळ्ळया उपरांत, ताची प्रत अभिलेखाचे आदवोगाद डॉ. सिंघवी, श्रीमती सुरुची अग्रवाल, आदवोगाद हांकां दिवंक जाय.

आयज सावन स सप्तकां भितर वयर नमूद केल्ल्या अटीं प्रमाणें अहवाल ह्या न्यायालयाक दिवंक जाय. सात सप्तकां उपरांत हें प्रकरण निरिक्षणा खातीर बोर्डाचेर दवरतले.

आर. पी.

सीआरएल. एम.पी. प्रलंबीत आनी
याचिका निकालांत काडल्या.

*अस्विकरण*

*ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक मेळचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वियन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.*

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**